# Akashvani Panaji Goa National Bulletin 8.40am 10.04.24

मुखेल खबरो

१ लोकसभेच्या प्रचाराक नेट, मोठ्या प्रमाणांत जनसभा, रोड शो, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्यो आज तामिळनाडू, महाराष्ट्राच्या नागपूरांत सभा

२. लोकसभा वैचणूकेच्या दुसऱ्या पांवड्यावेल्या वैचणूर्केत १३ राज्यां आनी केंद्रशासीत पदेशांच्या लोकसभा मतदारसंघांनी १ हजार २१० उमेदवार वैचणूक रिंगणांत.

३. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज नवी दिल्लीच्या द्वारकांक दोन दिसांच्या आंतरराष्ट्रीय होमियोपथी संशोधन परिसंवाद 2024 च्यो करतल्यो उक्तावण

४. इडीन केल्ले अटके आड दिल्लीचों मुख्यमंत्री अरविंद केजरीवाल हाणीं दिल्ली उच्च न्यायालयांत घाल्ली याचिका खंडपीठान न्हयकारली.

५. वेंचणूकेत मतदान केल्ले परीक्षार्थी, ज्यांच्या बोटार निळे शायेची खूण आसा, तांकां परीक्षा केंद्रांत प्रवेश न्हयकारचे ना, एनटीएचे खुलासो

६. मध्य भारत आनी उदैत्या भारतीय वाठारांत गडगड, जगलां, मोठें वारें मारून पावस पडपाचो हवामान खात्याचो अदमास, दक्षिण-उदैर्तेत कालोराच्या ल्हाराची शक्यताय

७. आयपीएल क्रिकेट खेळा सतींत रातीं जाल्ल्या खेळांत सनरायजर्स हैदराबादान पंजाब किंग्साक हारयले २ धांवड्यांनी, आज गुजरात टायटन्स आनी राजस्थान रॉयल्स

सभा कॅम्पेन ६३० : 170

लोकसभेचे बॅचणूकेचो प्रचार नेट धरता. मोठ्या राजकी पक्षांचे खडेगांठ प्रचारक फुडारी देशभर वेगवेगळ्या वाठारांनी, मतदारसंघांनी आप आपल्या उमेदवारांखातीर प्रचाराच्यो सभा आनी रोड-शो करून मतदारांक ओडपाक गुंतल्यात. भाजपाचे ज्येश्ट फुडारी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी कालसावन तामिळनाडूचे दोन दिसांचे प्रचार भोंवडेर आसात. काल सांजे तांचो चेन्नयंत रोड-शो जालो. भाजपाच्यो उमेदवार डॉक्टर तामिलिसाई सुंदरराजन, पॉल कणगराज आनी विनोज पी सेल्वम हे दरेकी दक्षिणी चेन्नय, उत्तरी चेन्नय आनी मध्य चेन्नय मतदारसंघांत उमेदवार आसात. तांच्या प्रचाराखातीर प्रधानमंत्र्यांचो चेन्नयंत रोड शो जालो. तांचेबरोबर भाजपाचे तामिळनाडूचे प्रदेश अध्यक्ष के अण्णामलाय आनी बाकीचे फुडारी आशिल्ले. आज तामिळनाडूचे कोइंबातूर लागसार प्रधानमंत्र्यांच्यो वेल्लोर आनी मेतूपलयम अशो दोन जनसभा जातल्यो. इतले मजगतीं, कॉंग्रेस पक्षान लोकसभा आनी आंध्र प्रदेशाचे विधानसभा वैचणूकेखातीर आपल्या आनीक १२ उमेदवारांची वळेरी ज्यारी केली. पक्षान पुलूसू

सत्यनारायण रेड्डी हांकां विशाखापट्टणमांत, जाल्यार डॉक्टर चिंता मोहन हांकां तिरुपती मतदारसंघाची उमेदवारी दिल्या.

राष्ट्र भाजपा पीएम १०५

भाजपाचे ज्येश्ट फुडारी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची आज सांजे महाराष्ट्राच्या नागपूर जिल्ल्यांत प्रछार सभा जातली. रामटेकांत कन्हान वाठारांत महायुतीच्या उमेदवारांच्या प्रचारांत प्रधानमंत्री वांटेकार जातले. शिवसेना शिंदे गटाचे राजू पारवे पयलेच खेप रामटेक लोकसभा मतदारसंघाचे उमेदवार आसात, जाल्यार भाजपाचे ज्येश्ठ फुडारी, केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी नागपूर लोकसभा मतदारसंघांत तिसरे खेप उमेदवार आसात. महाराष्ट्रांतले भाजपाचे ज्येश्ट फुडारी आनी पदाधिकारी प्रधानमंत्र्यांचे हे जनसभेत वांटेकार जातले. रामटेक मतदारसंघांत श्याम बर्वे हे काँग्रेसीचे उमेदवार आसात. प्रकार आंबेडकर हांच्या वंचित बहुजन आघाडीन ह्या मतदारसंघांत काँग्रेस पक्षाच्या उमेदवाराक तेंको दिला. काँग्रेसीचे प्रदेश अध्यक्ष आनी अस्तंत नागपूराचे आमदार विकास ठाकरे हांकां नितीन गडकरींचे आड उमेदवारी दिल्या. ठाकरे तांकांय वंचीत बहुजन आघाडीन तेंको दिला.

म मोदी एमपी १००

२०२४ची लोकसभेची वैचणूक ही २१व्या शेंकड्याखातीर म्हत्वाची वैचणूक. भाजपाचे ज्येश्ट फुडारी, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीं म्हणलां, मध्य प्रदेशाच्या बालघाटांत जनसमैत प्रधानमंत्री उलयताले. ही फक्त वैचणूक न्ही. नवो भारत उभो करपाखातीर है मिशन, अशें प्रधानमंत्र्यांनी म्हणलां. मोदी सरकार हो सबका साथ सबका विकासाचो मंत्र घेवन चलता. देशाच्या दरेक गांवाक हो सरकार प्राधान्य दिला. सरकार देशांत मुळाव्यो सुविदा उभ्यो करपाखातीर कोट्यांनी रुपया खर्च करता. भाजपा सरकार दलित, मागास, आदिवासी समाज घटकांक मान-सन्मान दिला. आदल्या सरकारान तांकां वंचीत दवरिल्ले. कॉंग्रेसीचे राजवटीत कॉंग्रेस सरकार आपले प्रस्न घेवन हेर देशांकडेन विनवणेक वतालो, आतां मोठे-मोठे देश तांचे प्रस्न घेवन ारताकडेन येतात. दरेक भारतीयाचो आज आत्मविस्वास, मानसन्मान वाडला, अशें प्रधानमंत्री उलयले.

केजरीवाल ७०

इडीन केल्ले अटके आड दिल्लीचों, मुख्यमंत्री अरविंद केजरीवाल हाणीं/ दिल्ली उच्च न्यायालयांत घाल्ली याचिका खंडपीठान न्हयकारली. सोरो धोरणांत कथीत घोटाळ्याचे प्रकरणांत अर्थिक गैरवेव्हाराच्या आरोपांवेल्यान केजरीवाल हांकां अटक केल्या उपरांत मुळाव्या न्यायालयान केजरीवालाक इडीचे कोठर्येत धाडिल्ले. वैचणूकेचे फाटभुंयेर आपल्याक अटक कल्या असो केजरीवालाचो दावो आशिल्लो. इडीन केल्ले अटके आड ह्या दाव्याक सबळ पुरावो ना, अशें न्यायालयान म्हणलां. केजरीवाल सध्या न्यायालयीन कोठयॅल आसा. २१ मार्चाक ताका अटक केल्ली. तो १५ एप्रिलमेरेन न्यायालयीन कोठयंत उरतलों.

सभा फेज-टू २०

लोकसभा वैचणूकेच्या दुसऱ्या पांवड्यावेल्या वैचणूकैत १३ राज्यां आनी केंद्रशासीत प्रदेशांच्या लोकसभा मतदारसंघांनी एकूण १ हजार २१० उमेदवार वैचणूक रिंगणांत आसात. वैचणूक आयोगान ही म्हायती दिल्या. ह्या पांवड्यार ८८ मतदारसंघांखातीर २ हजार ६३३ उमेदवारांनी उमेदवारी दाखल केल्ली. विस्कटावणे उपरांत १ हजार ४२८ उमेदवारी अर्ज बाद थारले. उमेदवारी फाटर्टी घेवपाची मुजत सोपली. ते उपरांत वैचणूक आयोगान उमेदवारांची वळेरी ज्यारी केल्या. ह्या पांवड्यार २६ एप्रिलाक मतदान जातलें. ह्या पांवड्यार केरळांत २० मतदारसंघांनी ५०० उमेदवार, कर्नाटकांत १४ मतदारसंघांनी ४९१ उमेदवार आसात. त्रिपुरांत १४ उमेदवार आसात. महाराष्ट्रांतल्या नांदेड मतदारसंघांत ९२ उमेदवारी अर्ज आयल्यात.

एमडी रेनफॉल १००

मध्य प्रदेश, छत्तीसगढ, विदर्भ, महाराष्ट्र, गंगेचो अस्तंत बंगाल वांठार, झारखंड, ओडिशा, बिहार आनी अंदमान निकोबार जुव्यां वांठारांनी शेनवार मेरेन गडगड, जगलां, नेटान वारें मारून पावस पडू येता, असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान केला. तेलंगण, केरळांतूय फुडले सात दीस गडगड, जगलां, नेटान वारें मारून पावस पडूं येता असो हवामान खात्याचो अदमास आसा. मध्य प्रदेश आनी विदर्भांतूय आज गारांचो पावस पडूं येता. उत्तरी-उदैत्या वाठारांतूय फुडले पांच दीस गडगड, जगलां, पावसाळे आनी बर्फवृश्टीचे हवामान आसपाचो अदमास आसा. तेचबरोबर ब्रेस्तारमेरेन सौराष्ट्र, कच्छ, दर्यादेग आंध्र प्रदेश, यनाम, दक्षिणा कर्नाटक, तामिळनाडू, पुड्डुचेरी, करायकाल, रायलसीमांत कालोराच्या ल्हारासारखें हवामान आसपाचो अदमासूय वामान खात्यान केला.

तो मुर्मू ८०

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज नवी दिल्लीत दोन दिसांचे होमियोपथी संवसारीक परिसंवाद २०२४चें उक्तावण करतल्यो. नवी दिल्लीतल्या द्वारकांत यशोभूमी परिशद घरांत हो परिसंवाद जातलो. केंद्रीय होमियोपथी संशोधन मंडळ / सीसीआरएच हे आयुश मंत्रालयाच्या पालवान हो आंतरराष्ट्रीय परिसंवाद घडोवन हाडटात. संशोधनाचे सबलीकरण, वेवसायीक कार्यक्षमतेत वृद्धी, अशे संकल्पनेचेर हो परिसंवाद जातलो. होमियोपथी संशोधनाचे मळार भलायकी आनी बॅलनॅस, तशेच आधूनीक तंत्र आत्मसात करपाचे नजरेन ह्या परिसंवादांत चर्चा जातली. पातळपी दुर्येसां आनी भौशीक भलायकी, होमियोपथी वखदां प्रमाणीकरण, मुळावें संशोधन हेविशीं चर्चाजातली. कांय प्रकाशनांय ह्या परिसंवादांत उजवाडायतले.

नए ७५

बेंचणूकेंत मतदान केल्ले परीक्षार्थी, ज्यांच्या बोटार निळे शायेची खूण आसा, तांकां परीक्षा केंद्रांत प्रवेश न्हयकारचे ना, अशें राष्ट्रीय परीक्षा संस्था, एनडीएन स्पश्ट केलां. हेविशीं समाजमाध्यमांचेर पातळटात त्या खबरांनी कायंच तथ्य ना, असो खुलाचो एनटीएन केला. हेविशर्शी कसलेच निर्देश वा मार्गदर्शक तत्वां एनटीएन ज्यारी केल्लीं ना, अशेंय एनटीएन स्पश्ट केलां. अशा अफवांकडेन विद्यार्थ्यांनी लक्ष दिवचें न्ही. आपलो मतदानाचो हक्क पुराय करचो, असो उलो एनटीएन मारला. परीक्षार्थींनी अभ्यास आनी परिक्षेचेर लक्ष दिवचें, अशें एनटीएन म्हणलां.

पीएल १४५

आयपीएल क्रिकेट खेळा सतींत रातीं जाल्ल्या खेळांत सनरायजर्स हैदराबादान पंजाब किंग्साक दोन धांवड्यांनी हारयले. चंदिगढांत महाराज यादवेंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय मैदानाचेर हो खेळ जालो. १८३ धांवड्यांचो पाठलाग करतना पंजाब किंग्स २० शटकांनी स गडे वगडावन १८० धांवड्यांमेरेन पावंक शकले. पंजाबाखातीर शशांक सिंगान २५ बॉलांत ४६ धांवड्यो काडल्यो. आदीं फलंदाजी करतना हैदराबादान थारायिल्ल्या २० शटकांनी ९ गडे वगडावन १८२ धांवड्यो काडल्यो. नितीश रेड्डीक प्लेयर ऑफ द मॅच मान फावो जालो. आज गुजरात टायटन्स आनी राजस्थान रॉयल् हांचो जयपूरांत सांजे सवाई मानसिंग मैदानाचेर खेळ जातलो.

मोन्टे कार्लो मास्टर्स

मोन्टे कार्लो मास्टर्स टॅनिस सींत संवसारीक पयले सुवातेवेली, भारताचो रोहन बोपण्णा आनी ताचो ऑस्ट्रेलियाचो साथीदार मॅथ्यू ॲब्डन हाची जोडी आज क्रोएशियाचो मेट पॅविक आनी एल साल्वादोराच्या मार्सेलो आरेवालो हांचे जोडये आड दादल्यां दोट्टी गटांत कॉर्टेरफायनलपूर्व पांवड्यार झुंजतली. भारतीय प्रमाण वेळेप्रमाण सांजे ५ वरां जावन १० मिनटांचेर खेळ सुरु जातलो. दादल्यां एकोड्या गटांत भारताचो सुमित नागल डॅन्मार्काच्या हॉल्गर रुने आड बत्तीसांचे फेरयेंत झुंजतलो.

आता परतुन एक फाल्ट कांग

मुखेल खबरो. वेदा ता. 10 एप्रिल.... वेळ सकाळी ८.९

१ लोकसभेच्या प्रचाराक नेट, मोठ्या प्रमाणांत जनसभा, रोड-शो, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्यो आज तामिळनाडू, महाराष्ट्राच्या नागपूरांत सभा

२. लोकसभा वेचणूकेच्या दुसऱ्या पांवड्यावेल्या वैचणूकेत १३ राज्यां आनी केंद्रशासीत प्रदेशांच्या लोकसभा मतदारसंघांनी १ हजार २१० उमेदवार वैचणूक रिंगणांत.

३. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज नवी दिल्लीच्या द्वारकांक दोन दिसांच्या आंतरराष्ट्रीय होमियोपथी संशोधन परिसंवाद 2024च्यो करतल्यो उक्तावण

४. इडीन केल्ले अटके आड दिल्लीचो मुख्यमंत्री अरविंद केजरीवाल हाणी दिल्ली उच्च न्यायालयांत घाल्ली याचिका खंडपीठान न्हयकारली.

५. वेंचणूकेत मतदान केल्ले परीक्षार्थी, ज्यांच्या बोटार निळे शायेची खूण आसा, तांकां परीक्षा केंद्रांत प्रवेश न्हयकारचे ना, एनटीएचे खुलासो

६. मध्य भारत आनी उर्देत्या भारतीय वाठारांत गडगड, जगलां, मोठें वारें मारून पावस पडपाचो हवामान खात्याचो अदमास, दक्षिण-उदैर्तेत कालोराच्या ल्हाराची शक्यताय

७. आयपीएल क्रिकेट खेळा सतींत रार्ती जाल्ल्या खेळांत सनरायजर्स हैदराबादान पंजाब किंग्साक हारयले २ धांवड्यांनी, आज गुजरात टायटन्स आनी राजस्थान रॉयल्स

उत्तल्यान यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो